राजश्री कामत राष्ट्रीय खबरो २१.०४.२०२६ @ ८.४० am

- भारतांत कुशळटाय, गती आनी व्याप्ती आसा, जाल्यार कोरियांत उच्च उच्च-तंत्रज्ञान निर्मिती क्षेत्रातली निपुणताय आसा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणला.
- दोन्ही देशांमधली सामरिक संरक्षण भागीदारी अधिक घटट करपाक संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आज सावन जर्मनीच्या तीन दिसांच्या दौऱ्यार वतले.
- देशभरात घरगुती एलपीजीची पुरवण स्थिर असून वितरक केंद्रांर कसलीच पुरवण खंडित जाल्याची खबर ना अशे सरकारान सांगला.
- आयपीएल क्रिकेटांत सांजवेळा 7:30 वरांचेर सनरायझर्स हैदराबाद आनी दिल्ली कॅपिटल्स हांचे मदीं खेळ जातलो.

मुर्मू

भारतांत कुशळटाय, गती आनी व्याप्ती आसा, जाल्यार कोरियांत उच्च-तंत्रज्ञान निर्मिती क्षेत्रातली निपुणताय आसा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणला. दोनूय देशांचे बळगें एकठांय करून दोनूय राश्ट्रांच्या तरणाट्यां खातीर आमी अगणित संदी निर्माण करूंक शकतात. काल राष्ट्रपती भवनांत रिपब्लिक ऑफ कोरियाचे अध्यक्ष ली जे-म्युंग हांकां येवकार दितना राष्ट्रपतीनी सांगलें, मानवतेचो शाश्वत फुडार सुरक्षीत करपा खातीर भारत आनी कोरियान हरित आनी निवळ उर्जेच्या मळार तशेंच हवामान संबंदीत हेर तंत्रगिन्यानाच्या मळार सहकार्याच्यो संदी सोदून काडच्यो. जहाज बांदप, बंदर उदरगत, डिजिटल सहकार, ल्हान आनी मध्यम उद्देग, तिखें, शिक्षण, संशोधन, संस्कृताय आनी लोकां मदीं संपर्क अशा वेगवेगळ्या मळार द्विपक्षीय सहकार्या खातीर दोनूय वटांनी महत्वाकांक्षी अजेंडा थारायिल्ल्याची तानी दखल घेतली. तशेंच ‘व्यापक अर्थीक भागीदारी कबलात विशीं वाटाघाटी परतून सुरू करपा खातीर दोनूय वटांनी ‘संयुक्त घोशणापत्र’ आपणायला असोय उल्लेख तांणी केला.

सीतारामन

अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी नवी दिल्लीत कोरियाच्या वित्तीय सेवा आयोगाचे अध्यक्ष, ली इओग-वेऑन हांची भेट घेतली. अर्थ मंत्रालयान एका सोशल मीडिया पोस्टात माहिती दिली की, दोनुय देशांमधले सहकार्य आणि ज्ञानाची देवाणघेवाण वाडोवपाच्या मार्गांर चर्चा जाली. या क्षेत्रांमदी फिनटेक नवोपक्रम, डिजिटल पेमेंट, गुंतवणूक, स्थानिक चलन सेटलमेंट आणि गिफ्ट सिटी आनी आंतरराष्ट्रीय वित्तीय सेवा केंद्र प्राधिकरणातल्या व्यवसायाच्या संधीचो आसपाव आसा. दोन्ही वटांनी स्टार्टअप्स आणि द्विपक्षीय गुंतवणुकीच्या क्षेत्रात अधिक सहभागा खातीर मार्ग वळखुपाचेर विचारविनिमय केलो, जातुन भारताच्या राष्ट्रीय गुंतवणूक आणि मुळाव्या सुविधा निधीच्या माध्यमातल्यान जावपी गुंतवणुक आसपावता. या शिवाय आंतरराष्ट्रीय वित्तीय सेवा केंद्र प्राधिकरण आणि कोरियाच्या वित्तीय सेवा आयोगान एका समजीकायेच्या कबलातीचेर सय केल्या जायो उद्देश नियामक सहकार्य मजबूत करप आणि दोन्ही अधिकार क्षेत्रांमधल्या वित्तीय सेवा परिसंस्थेच्या विकासाक चालना दिवप आसा.

मोदी

भारत आनी दक्षिण कोरिया हांणी आयज खेळ, सांस्कृतीक आनी सृजनशील उद्देगाच्या मळार सहकार्याखातीर आनी उद्देगीक सहकार समिती स्थापन करपाखातीर चार समजिकायेच्यो कबलाति केल्यात. नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी दक्षिण कोरियाचे राष्ट्राध्यक्ष ली जे-म्युंग हांचे मदीं जाल्ले उलोण्या उपरांत ह्यो समजिकायेच्यो कबलाति जाल्यो.जागतीक तणावाच्या ह्या काळांत भारत आनी कोरिया एकठांय येवन शांतताय आनी स्थिरतायेचो संदेश दितात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां.

राजनाथ सिंह

दोन्ही देशांमधली सामरिक संरक्षण भागीदारी अधिक घटट करपाक संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आज सावन जर्मनीच्या तीन दिसांच्या दौऱ्यार वतले. संरक्षण मंत्रालयान म्हणला की, या दौऱ्यान सध्या सुरू आशिल्या संरक्षण सहकार्य उपक्रमांचो आढावो घेवपाची आणि दोन्ही देशांच्या संरक्षण उद्योगांमधल्या सहकार्या खातीर नवीन मार्ग सोधपाची संध मेळटली. आपल्या दौऱ्या वेळार, ते आपले जर्मन समपदस्थ बोरिस पिस्टोरियस वांगडा द्विपक्षीय चर्चा करतले. या चर्चेंत संरक्षण

औद्योगिक सहकार्य वाडोवप, लष्करी संबंध अधिक घटट करप आणि सायबर सुरक्षा, कृत्रिम बुद्धिमत्ता आनी ड्रोन यांसारख्या उदेत्या क्षेत्रां मदल्यो संधी सोदपाचेर लक्ष केंद्रित करतले. दोन्ही संरक्षण मंत्र्यांच्या उपस्थितीत संरक्षण औद्योगिक सहकार्य आराख डो आणि संयुक्त राष्ट्र शांतता मोहिमेतल्या प्रशिक्षणा खातीर सहकार्याच्या अंमलबजावणी कबलातीचेर सय जावपाची शक्यता आसा.द्विपक्षीय संबंध अधिक घट्ट करप आणि प्रादेशिक जागतिक शांतता, स्थिरता आणि समृद्धी त योगदान दिवप हो या दौऱ्याचो हेत

जितेंद्र

भारत 'इंडिया कूलिंग ॲक्शन प्लॅन'च्या अंमलबजावणी वरवी शाश्वत शीतकरण आणि हवामान बदलांक फुडो करपाच्या क्षमतेप्रती आपली वचनबद्धता अधिक घट्ट करता अशे नवी दिल्लीत आयोजित 'ग्लोबल हीट अँड कूलिंग फोरमात उलयताना केंद्रीय विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हांणी सांगले. मंत्र्यांनी नमूद केले की, हो कूलिंग ॲक्शन प्लॅन देशभरातल्या २५० परस चड शारांनी आधीच लागू केला. वाढते तापमान ही फकत एक पर्यावरणीय चिंता नसून, ताचो थेट संबंध संसर्गजन्य आणि असंसर्गजन्य अशा दोन्ही रोगांसयत वाढत्या भलायकी धोक्यां कडे आसा. भारता खातीर विशिष्ट संशोधन आणि उपायांच्या गरजेर तांणी भर दिलो आणि नमूद केले की, उष्णतेच्या ताणान डेंग्यूपासून ते हृदयविकारां मेरेनच्या दुयेंसाचेर परिणाम जाता जाका लागुन हवामान बदलांक प्रतिसाद दिवप हे भौशिक भलायकीचे प्राधान्य जाला.

LPG

पश्चिम आशियात सध्याच्या संकटाक लागुन निर्माण जाल्या आडमेळयांनी वितरक केंद्रांर पुरवठा खंडित जाल्याची कसलीच घडणुक घडुंक आनी देशभरात घरगुती एलपीजीची पुरवण स्थिर असून वितरक केंद्रांर कसलीच पुरवण खंडित जाल्याची खबर ना अशे सरकारान सांगला. नवी दिल्लीत एका आंतर-मंत्रालयीन पत्रकार परिषदेत उलयताना, पेट्रोलियम आणि सैमिक वायू मंत्रालयाची सचिव सुजाता शर्मा हांणी म्हणले की, प्रभावी व्यवस्थापना खातीर सरकार खुपशी महत्त्वपूर्ण पावलां उबारता, जशे की घरगुती एलपीजी उत्पादन वाडोवप, शारी आणि ग्रामीण दोन्ही भागांनी बुकिंगाचो काळ वाडोवप आणि गैरवापर रोखपाक डिलिव्हरी ऑथेंटिकेशन कोड

(DAC) लागू करप आसा. Byte बंदर आणि जहाजबांधणी मंत्रालयाचे संचालक मनदीप सिंग रंधावा यांनी माहिती दिली की, ९७ हजार मेट्रिक टनांपरस चड  कच्चे तेल घेऊन वचपी 'देशगरिमा' या भारतीय ध्वजांकित टँक रान या महिन्याच्या १८ तारखे क होर्मुझची सामुद्रधुनी सुरक्षितपणान पार केल्या

वेचणुक

आगामी राज्य विधानसभा वेचणुकांच्या फाटभुचेर वचेणूक आयोगाकड च्यान  एक कडक निर्देश जारी केला त्याप्रमाण शारी पोलीस, ग्राम पोलीस आणि ग्रीन पोलिसांक कसल्याच वेचणूक-संबंधित कर्तव्यांपा सत पयस दवरल्यात . मुख्य वेचणूक अधिकाऱ्यांच्या मतां प्रमाण, मुक्त आणि पारदर्शक मतदान सुनिश्चित करपाक हे पावल उखलला. मार्गदर्शक तत्त्वां प्रमाण मतदानाच्या तीन दिस आदी, सगळया शारी, ग्राम आणि ग्रीन पोलीस कर्मचाऱ्यांक राखीव पोलीस लायनीत घालप बंधनकारक आसा. थंय तैनात असताना, तांका कसलीच वेचणूक जापसालदारकी दिवचे नात मात मतदानाच्या दिसा तांका  साध्या वेशात मतदान कर पाची परवानगी आसतली. मतदान केंद्रांवर गणवेश परिधान करपाक सक्त मनाय केल्या. राज्यभरातले पोलीस आयुक्त आणि जिल्लो अधीक्षकांक या नियमांची कठोरपणान अंमलबजावणी कर पाचे निर्देश दिल्यात. वेचणूक आयोगान शिटकावणी दिल्या की, खंयचेय उल्लंघन हे गंभीर बाब मानतले

रेल्वे

भारतीय स्पष्ट केला की, दिव्यांग व्यक्ती  आता वैध युनिक डिसॅबिलिटी आयडी (UDID) कार्ड असल्यार मेल आणि एक्सप्रेस गाड्यांच्या अनारक्षित दिव्यांगजन डब्यांनी प्रवास करू शकतात. रेल्वे मंत्रालयान कळयला  की, दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण विभागान जारी केल्ले वैध (UDID) कार्ड वा सवलतीच्या दरा खातीर पात्र आशिल्ले दिव्यांग, निर्दिष्ट डब्यातल्यान वैध प्रवासी म्हणून धरतले. रेल्वेन सांगले की, हातुंत दिव्यांगजन डब्या सयत सेकंड क्लास लगेज-कम-ब्रेक व्हॅन (SLRD) आणि दिव्यांगजन डब्यासयत लगेज-कम-सेकंड क्लास लगेज-कम-ब्रेक व्हॅन (LSLRD) आसपावता. मात हाचे खातीर  वैध प्रवास प्राधिकरणाची आवश्यकता आसा. रेल्वेन अशेय निर्देश

दिल्यात की, खऱ्या लाभार्थ्यां खातीर उपलब्धता सुनिश्चित करपाक रेल्वे कायदो, १९८९ च्या तरतुदीं प्रमाण या डब्यांनी प्रवास करपी अनधिकृत प्रवाशांचेर कडक कारवाय करतले.

क्रीकेट

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमात जाल्ले मुंबय इंडियन्सान गुजरात टायटन्साक 99 धांवड्यांनी हारयले. हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमांत आयज सनरायझर्स हैदराबाद आनी दिल्ली कॅपिटल्स हांचे मदीं खेळ जातलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत चंडीगढ, दिल्ली, हरियाणा, उदेंत राजस्थान, उत्तर प्रदेश, छत्तीसगड, झारखंड, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, पंजाब आनी विदर्भा हांगा उश्णतायेच्या ल्हाराचो अदमास काडला. अरुणाचल प्रदेशांत आयज काय सुवातानी पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात.संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करू शकतात.आकाशवाणी पणजी न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर नैमितिक पदा खातीर तात्पुत्या करारा खातीर अर्ज मागयता. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे आसा